## गोंय विद्यापीठान ज्युनियर संशोधन वांगडी पदांखातीर अर्ज मागयल्यात

ता. 6 जून 2025

गोंय विद्यापीठान जैवतंत्रज्ञान विभाग, केंद्रीय विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्रालय पुरस्कृत "Technology Development and Bioprocess Engineering of Agro-Industrial and Single use Polyethylene waste to biodegradable Polyhydroxyalkanoates by Halophilic Micro organisms" ह्या विशया वयल्या संशोधन प्रकल्पाचेर काम करपाक एका ज्युनियर संशोधन वांगडी पदाच्या सुवाते खातीर पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागयल्यात.

प्रकल्पाचो कार्यकाळ तीन वर्सां आसून म्हयन्याक 37,000/- रूपया शिश्यवृत्ती पालव आनी 5920/- रूपया (16 टक्के घरभाडे भत्तो) दितले.

संशोधन वांगडी पदाखातीर गोंय विद्यापीठ आदारीत उमेदवारा कडेन CSIR-UGC NET वा GATE पात्रताये सयत सुक्ष्मजीवशास्त्र/सागरी सुक्ष्मजीवशास्त्र/जैवतंत्रज्ञान/जैवरसायन शास्त्रात एमएससी पात्रताय आसपाक जाय. मुलाखत 24 जून 2025 दिसा सकाळी 10.00 वराचेर गोंय विद्यापीठाच्या सुक्ष्मजीवशास्त्र विभागात जातली.

इत्सुक आनी पात्र उमेदवारांनी आपलो अर्ज, सीव्ही आनी दाखल्यांच्यो प्रती मुखेल संशोधक डॉ. भक्ती बी. साळगांवकर, सुक्ष्मजीवशास्त्र विभाग, SBSB, गोंय विद्यापीठ, ताळगांव पठार, गोंय-403206. हांका धाडचे.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/529

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.